National news 25.07.2025 @ 6.30 pm

मोदी 110

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आपल्या दोन देशांच्या दौऱ्याच्या दुसऱ्या टप्प्यात मालदीवाक पावले. मालदीवचे राष्ट्रपती डॉ. मोहम्मद मुइज्झू हाणी खास भेट म्हणून वेलाना आंतरराष्ट्रीय विमानतळार मोदींचे स्वागत केले. प्रधानमंत्र्यांचो मालदीवचो हो तिसरो दौरा आणि डॉ. मोहमद मुइज्झू यांच्या अध्यक्षतेखाला मालदीवचो पयलो आसा. आज, मोदी हांची राष्ट्रपती मुइज्झू हांचेकडे परस्पर हिताच्या मुद्द्यांर चर्चा सुरु आसा. ऑक्टोबर २०२४त मालदीवच्या राष्ट्रपतींच्या भारत दौऱ्यावेळार स्वीकारलेल्या व्यापक आर्थिक आणि दर्या सुरक्षा भागीदारी खातीर भारत-मालदीव संयुक्त दृष्टिकोनाच्या अंमलबजावणीतल्या प्रगतीचो आढावोय दोनय फुडारी घेतले . त्या भेटीमदी मालदीवात रुपे कार्ड लेगीन लाँच केले. आमच्या प्रतिनिधीकडे उलयताना मालदीवातले भारताचे उच्चायुक्त जी. बालासुब्रमण्यम यांनी सांगले की, मालदीवात यूपीआय लाँच करण्याबाबत दोन्ही वटेन गंभीर वाटाघाटी करतात

बिर्ला 150

वेगवेगळया मुद्द्यां वेल्यान विरोधकांनी केल्या गोंधळाक लागुन लोकसभा दनपारा २ मेरेन तहकूब केली. कारगिल विजय दिसाच्या २६ व्या वर्धापन दिसानिमित्त लोकसभेचे कामकाज सकाळी ११ क सुरू झाले तेन्ना सभागृहान देशाच्या शूर सैनिकांचे स्मरण केले आणि त्यांका श्रद्धांजली ओपली. लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला यांनी देशाच्या रक्षणाखातीर आपले प्राण अर्पण करपी भारतीय सशस्त्र दलांच्या शौर्य आणि पराक्रमाचे स्मरण केले. देशाच्या शूर सैनिकांच्या सन्मानार्थ सभागृहात शांतता पाळली.

ते उपरांत रोखडेच बिर्ला यांनी प्रश्नोत्तराचे वर सुरू करपाचो प्रयत्न केलो पुण विरोधी सदस्य बिहारातल्या विशेष सघन सुधारणा आणि ते फाटी घेवपा सयत वेगवेगळया मुद्द्यांर चर्चा कर पाची मागणी करत सभागृहाच्या वेदीकडे घुसले. बिर्ला यांनी विरोधकांक प्रश्नोत्तराचे वर सुरू करपाची विनंती केली पुण विरोधी सदस्यांनी त्यांच्या आवाहनाकडे दुर्लक्ष केले आणि त्यांचो निषेध सुरू दवरलो जाका लागुन, सभागृह दनपार २ मेरेन तहकूब केले.

लोकसभा 60

चालू आशिल्ल्या पावसाळी अधिवेशनांत सभाघराचें काम जावचें हे खातीर लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हानी आयज लोकसभेंतल्या सगल्या पक्षांच्या फुडाऱ्यांची बसका घेतली. सोमारा सावन सभाघराचें काम सुरळीत पणान जावचे हे खातीर बसकेंत एकमत झाले

प्रश्नोत्तराच्या वेळार चर्चा सुरू जावची म्हणून सभाघराचे काम सुरळीत पणान करपाचेर बिर्ला हानी भर दिलो.

हे बसके वेळार भाजपा, काँग्रेस, समाजवादी पार्टी, जनता दल (युनायटेड) आनी तृणमूल काँग्रेसीचे फुडारी हाजीर आशिल्ले.

IB 100

भारत सरकारच्या माहिती आणि प्रसारण मंत्रालय (MIB) न एक अधिसूचना जारी केल्या जातुन इंटरनेट सेवा प्रदात्यांक भारतातल्या २५ वेबसायटीक जे प्रतिबंधित सामग्रीचे प्रदर्शन करतात तांकाभौशिक प्रवेश बंद करपाचे निर्देश दिल्यात मंत्रालयान ह्यो वेबसाइट्स वेगवेगळया कायद्यांचे उल्लंघन करता म्हण नोंद केला,जी माहिती तंत्रज्ञान कायदो, २००० च्या कलम ६७ आणि कलम ६७अ, भारतीय न्याय संहिता, २०२३ च्या कलम २९४ आणि बायलांचे अश्लील प्रतिनिधित्व (प्रतिबंध) कायदो, १९८६ च्या कलम ४ त समावेश जाता . माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाच्या अधिसूचनेत माहिती तंत्रज्ञान कायदो, २००० आणि माहिती तंत्रज्ञान (मध्यस्थ मार्गदर्शक तत्वां आणि डिजिटल मीडिया नीतिमत्ता संहिता) नियम, २०२१ अंतर्गत बेकायदेशीर माहितीचो प्रवेश काढून उडोवपाची वा बंद कर पाची मध्यस्थांची जापसालदारकी अधोरेखित केल्या

वेदर 45

अतिवृष्टीक लागुनआज ओडिशा, गंगीय पश्चिम बंगाल, छत्तीसगड आणि विदर्भात आयएमडीन रेड अलर्ट जारी केला आकाशवाणी न्यूज कडे उलयताना, वरिष्ठ आयएमडी शास्त्रज्ञ डॉ. आर के जेनामानी हाणी म्हणले की, कोकण, महाराष्ट्र, कर्नाटक आणि केरळ सयत देशाच्या पश्चिम आणि दक्षिण द्वीप कल्पीय भागात आज आणि फाल्या घोग्यांनी पावसाची परिस्थिती कायम उरतली.

बुद्धिबळ 20

भारताची नंबर १ बायल बुद्धिबळपटू कोनेरू हम्पीन काल राती जॉर्जियात बटुमी हांगा जाल्या FIDE बायला विश्वचषकात चीनच्या अव्वल मानांकित लेई टिंगजीचो पराभव केलो.